## स्टार्टअप्सांक उर्बा दिवपाक स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागाचे साबार कार्यक्रम

ता. 13 जुलय 2020

म्हायती तंत्रज्ञान खात्याखाला कार्यरत आशिल्लो स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग गोंय स्टार्टअप धोरणाच्या अंमलबजावणी खातीर नोडल एजन्सी आसा. गोंयचो स्टार्टअप डॅस्टिनेशन म्हुण विकास करपाक आनी राज्यांतल्या नोंदणीकृत स्टार्टअप्सांक मदत करपा खातीर स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग फाटल्या एका वर्सा सावन नेटान काम करता. मुख्य कार्यकारी अधिकारी हे ह्या विभागाचे मुखेली आसून विभागाचे कामकाज वेवस्थित तरेन चलोवप ही तांची जबाबदारी आसा.

स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागा सयत म्हायती तंत्रज्ञान खात्यात अनेक उच्च शिक्षीत आनी अणभवी अधिकारी आसात. स्टार्टअप धोरणाच्या अंमलबजावणीचेर तांणी विंगड विंगड राज्य सरकाराच्या विभागांनी काम केल्ले आसा. यशस्वी स्टार्टअप वेवसायिकांचोय तांचेमदी आसपाव आसा. तशेंच विभागात कायद्याचे आनी अर्थिक वेव्हाराचे ज्ञान आशिल्ले अधिकारी आसात. म्हायती तंत्रज्ञान मंत्र्यांच्या देखरेखीखाला विभागाचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी आनी समन्वयक नेमान अधिकाऱ्यांच्या पंगडाक मार्गदर्शन करतात.

स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागान आता मेरेन 88 स्टार्टअप्सांक मान्यताय दिवन लागींलागीं एक कोटीच्यो आर्थिक सुविधां दिल्यात . तशेंच स्टार्टअप्सांक सुमार 1.8 कोटी रूपयां मंजूर केल्यात. उरिल्ली रक्कम धोरणाच्या नेमाप्रमाण स्टार्टअप्सांकडल्यान अर्ज आयले उपरांत दितले.

विंगड विंगड येवजणांखाला 21 स्टार्टअप्सांनी आर्थिक मदत घेतलेली आसा. गोंयांत दोन फावट स्टार्टअप इंडिया ग्लोबल व्हॅन्चर कॅपीटल परिशदेचे आयोजन केले. स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागान 10 को-वर्किंग स्पेसीस आनी इन्क्युबेटर्स हेल्पडेस्क सुरू केल्यात. स्टार्टअप्सांक वेवसायिक आनी उद्‌देगीक आस्थापनांकडल्यान मार्गदर्शन आनी सहकार्य मेळचे म्हुण स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागाचे अधिकारी तांच्या प्रतिनिधीकडेन सतत सतत संपर्कात रावन चर्चा करतात आनी सल्लो घेतात.

शिक्षणीक संस्थांनी संपर्क कार्यक्रम आयोजीत करून विद्यार्थ्यांमदी वेवसायिकता आनी नवीन कुशळताय वाडोवपाचे प्रयत्न स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग करता. विभागान स्टार्टअप्सांखातीर मायक्रोसॉफ्ट फाऊंडर्स बुट शिबीराचे आयोजन केले. राष्ट्रीय तंत्रज्ञान दीस 2020 निमतान ऑनलायन तशेंच ऑफलायन बुट शिबीरां, चर्चासत्रां आनी कार्यशाळां आयोजीत केल्यो. स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग सोशल माध्यमावरवीं म्हत्वाची म्हायती लोकांमेरेन पावयता. आयच्या कोवीड-19 संसर्गाच्या काळात सगळ्या वेवसायिकांक सोशल माध्यमांवयल्यान दिवपात येवपी म्हायतीचो खुप बरो उपयोग जाता.

स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग सध्या वेगळे वेगळे उपक्रम आनी नवीन गोंय स्टार्टअप धोरणाचेर काम करता. चड म्हायती खातीर www.startupgoa.gov.in ह्या पोर्टलाचेर वा ह्या spc-dit.goa@gov.in ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/382

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA